Panaji Regional 19th February 2025 7.25am

Rashmi 110

गोंय पुलिशेचे 1930 cyber हॅल्पलायन सेंटर , तशेंच येरादारी पुलिशेचे quick pass mobile app, AI LAB (ए. आय लॅब),चे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. ह्यावेळार सायबर योध्दा लॉंच करपाची कार्यावळ जाली. ही कार्यावळ रायबंदरा गोंय पुलिशेच्या सायबर क्रायम फाट्यात जाली. सायबर क्रायमाविशीं लोकामदी जागृताय जावपाची गरज आसा. अनवळखी फोन नंबरावेल्यान पयशे मागपी, वा अपहरण केल्याचे सांगुन पैशे, वा बॅंक खात्याचे पीन नंबर वा बॅंकीच्या कार्डाचो नंबर दिवचे न्ही, पैशे दोबरात करपाच्या हावेसात गोंयकारांनी फसचे न्ही अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान सांगले. गोंय हे जागतिक पर्यटन थळ आशिल्यान हांगा स्मार्ट पुलिसिगेंवरवी सुरक्षितताय दिवपाची गरज आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. ह्यावेळार पुलिस महानिरीक्षक ओमवीर सिंग बिस्णोई, पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार , सायबर क्रायम विभागाचे पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता, हाजीर आशिल्ले.

**PTI 145**

**दोन थळाव्या लोकांक अमेरिकेत बेकायदेशीर प्रवासात मदत केल्याबद्दल आनी तांची १८.५ लाख रुपयांची फसवणूक केल्याबद्दल एका एजंटाचेर गोंय पुलिसांनी केस नोंद केल्या अशें एका अधिकाऱ्यान सांगलें. वास्को काम करपी स्टॅनली जॉर्जाचेर फसवणुकीच्या आरोपांत एफआयआर दाखल केला अशें पुलीस उपअधीक्षक गुरूदास कदमान पीटीआय कडेन उलयतना सांगलें. राज्यांतले दोन रहिवासी, जांची वळख पुलिसांनी उक्ती करूंक ना, ते शेनवारा रातीं भारतीय निर्वासितांक घेवन वचपी विमानांतल्यान अमृतसर विमानतळार देंवले.आयतारा दोगांय गोंयांत पावले आनी तांची पुलिसांनी चवकशी केली.जॉर्जान ताका अमेरिकेंत नोकऱ्यो दिवपाचें उतर दिलां अशें कदमान सांगलें. बेकायदेशीर रितीन अमेरिकेंत प्रवेश करपाचो यत्न करतना ह्या दोगांयक मेक्सिकोंत अटक केल्ली आनी अमेरिकेच्या सरकारान तांकां (भारतांत) हद्दपार केले,अशें तांणी सांगलें. अमृतसरांतल्यान दोनूय सरकारी नागरिक**

**विमानांतल्यान आयल्यात अशें राज्याचे प्रवासी भारतीय आयुक्त नरेंद्र सावईकार हांणी सांगिल्लें.**

Proposed Nagpur-Goa highway - 65

प्रस्तावीत 802 किलोमीटर नागपूर-गोवा शक्तिपीठ एक्सप्रेस मार्गावेल्यान महाराष्ट्राच्या विदर्भ आनी मराठवाडा वाठारांतल्या शेतकार फुडाऱ्यां मदीं जमनी संपादनाचो हुस्को आनी कथित असमानता अशा वेगवेगळ्या मुद्द्यावेल्यान फूट पडल्या.

विदर्भांतले शेतकार अर्थीक फायदो आनी बाजारपेठेंत सुदारणा जातली अशी अपेक्षा दवरून मोठ्या प्रमाणात या प्रकल्पाचे समर्थन करतात, मराठवाडा आनी सांगली आनी कोल्हापूर (राज्याच्या अस्तंत भागांत) हांगाच्या शेतकारांनी स्थलांतर, शेतकी जमीन वचप आनी फावो ती भरपाय न मेळपाची भिरांत उक्तायल्या.

Rajesh 155

दिवचल शहरात 19 फेब्रुवारी सरकारी पातळीचेर शिवजयंती कार्यावळ व्हडा उमेदीन आनी विंगड विंगड कार्यावळीनी जातली अशी माहिती दिवचल मतदार संघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेट्ये हाणीं दिल्या. हे कार्यवळीची अधिक माहिती दितना तांणी सांगले की 19 फेब्रुवारी दिसा शिवजयंतीची कार्यावळ दिवचल शहरात वडा नेटान साजरी करतले. आयएएस अधिकारी आनी दिवचलचे भूमिपुत्र अमरसिंह राणे उक्तावण करतले. 19 फेब्रुवारी दिसा सांजे चार वरांचेर लेझीम नाच ,घोडेमोडणी ,तशेच मिरवणूक जातली. उपरांत जावपी इनाम वाटप सोहळ्यात मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ,भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नाईक, मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट आनी हेर मानेस्त हजर आसतले.

Carnival – 110

28 फेब्रुवारी सावन वर्सुकी गोंय कार्निवाल मनयतले आनी 1 मार्च सावन दर्यादेगेवेल्या राज्यांत फ्लोट परेड जातली अशें एका अधिकाऱ्यान मंगळारा सांगलें. पर्यटन खात्यान क्लीव्हन मॅथ्यू फर्नांडीस हाका ह्या वर्साचो 'किंग मोमो', म्हणून घोषित केला.

राज्यांत वर्सुकी कार्निवाल महोत्सव 28 फेब्रुवारी ते 4 मार्च मेरेन मनयतले अशें पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी पीटीआय कडेन उलयतना सांगलें.

परवरे 28 फेब्रुवारीक भव्य curtain raiser फ्लोट परेड जातली, उपरांत 1 मार्चाक पणजे फ्लोट परेड जातली अशें तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत पणजेंत फ्लोट परेडाक पांचवो बावतो दाखयतले अशें नायक हांणी सांगलें.

ते उपरांत 2 मार्चाक दक्षिण गोंयात मडगावा , 3 मार्चाक दक्षिण गोंयात वास्को आनी 4 मार्चाक उत्तर गोंयात मापसा आनी मोरजे फ्लोट परेड जातल्यो.